# फाल्या 9 जानेवारीक विधिकार दीस

ता. 8 जानेवारी 2026

गोंय विधिकार मंचावतीन फाल्या ता. 9 जानेवारी 2026 दिसा पर्वरी विधानसभा प्रकल्पात सकाळी 9.30 वरा सावन गोंय विधिकार दीस मनोवपात येतलो.

विधिकार दीस कार्यक्रमात सभापती, मुख्यमंत्री, उपसभापती, विधानसभा वेव्हारमंत्री, विरोधी पक्ष फुडारी आनी मंत्री उलवप करतले. उपरांत जावपी चर्चासत्र कार्यक्रमात मंत्री, आमदार, खासदार, आदले आमदार, आदले खासदार वाटो घेतले.

गुजरातच्या नॅशनल फोरेन्सिक सायन्स विद्यापीठाचे उपकुलगुरू डॉ. जे. एम. व्यास कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते आसतले.

विधिकार मंचान सगळें मंत्री, आमदार, खासदार, आदले आमदार, आदले खासदार हांकां कार्यावळींक आमंत्रीत केल्यात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/30

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.